AXIS BANK

# राष्ट्रव्यापी सखोल जागृताय कार्यावळ

**भारतीय रिझर्व बँके वतीन नियमन केल्ल्या संस्थांच्या पालवान घडोवंन हाडिल्लो एक जागृताय उपक्रम**

**(01 नोव्हेंबर, 2022 ते 30 नोव्हेंबर, 2022)**

# विशय सूची


| अ.क्र. | विशय | स्लायड क्रमांक |
|---|---|---|
| 1 | अंतर्गत कागाळ निवारण यंत्रणा | 3-4 |
| 2 | पर्यायी कागाळ निवारण यंत्रणा | 5-6 |
| 3 | सुरक्षित डिजिटल बँकिंग पद्दती | 7-11 |
| 4 | फटवणूक प्रतिबंधात्मक उपाय | 12-14 |
| 5 | गिरायक संरक्षण धोरण | 15 |
| 6 | बँकिंगात तंत्रज्ञानाचो वापर | 16-17 |
| 7 | वरिष्ठ नागरीक आनी भिन्न दुबळ्या नागिरकांखातीर डोअरस्टेप बँकिंग सेवा | 18-19 |
| 8 | एसएसएमईएस/स्व आदार गटां खातीर उपलब्ध बँकिंग सेवा | 20 |

# किदें करपाचें ताची म्हायती ना?



# अंतर्गत कागाळ निवारण यंत्रणा

## कागाळ निवारणाचो 1लो मार्ग

- ✓ शाखा / एटीएम
- ✓ इन्स्टंट चॅट/ एजंट वांगडा चॅट
- ✓ आमकां / कॉल सँटराक कळोवचें
- ✓ ईमेल वरवीं कनॅक्ट जावचें

## कागाळ निवारणाचो 2रो मार्ग

- ✓ बँकेच्या नोडल अधिका-याक बरोवचें
- ✓ कागाळ फॉर्म डावनलोड करचें आनी ताचेर बरयिल्ल्या नाम्याचेर तें भरून धाडचें
- ✓ शाखे संबंदांन कागाळ आसल्यार, सर्कल नोडल अधिका-याची भेट घेवची

## कागाळ निवारणाचो 3रो मार्ग

- ✓ मुखेल नोडल अधिका-याक मेळचें
- ✓ पीएनओ क ईमेल धाडूंक वॅबसायटीचेर क्लीक करचें
- ✓ कागाळ फॉर्म डावनलोड करचें आनी ताचेर आसपी नाम्याचेर तें भरून धाडचें




**आरबीआय च्या बँकिंग लोकपालाकडेन संपर्क करचो – बँकिंग क्षेत्रातलो थर्ड अम्पायर**

1. बँक तुमच्या समाधाना मेरेन एका म्हयन्याभितर तुमची कागाळ सुटावी करिना जाल्यार, आरबीआयच्या बँकिंग लोकपालाकडेन संपर्क करचो
2. बँकिंग लोकपाल येवजण निशुल्क आसा आनी तुमच्यो बँकिंग कागाळी सोडोवपाचो सुरळीत मार्ग आसा
3. बँकिंग लोकपाल येवजण बँकिंग सेवांनी आसपी खुबश्या उणावांचो समावेश करता

# पर्यायी कागाळ निवारण यंत्रणा
# रिझर्व बँक – एकात्मिक लोकपाल येवजण, 2021

## तुमची खंयचीय बँक वा एनबीएफसी आड कागाळ आसल्यार ताचेर समाधान मेळोवपाच्यो कृती?

**बँको/एनबीएफसीएस**



**एके म्हयन्याभितर कसलोच उपाय काडलो ना वा तो समाधानकारक नासल्यार**

**आरबीआय लोकपाल कचेरी**

**एके म्हयन्याभितर कसलोच उपाय काडलो ना वा तो समाधानकारक नासल्यार**

**अपील-प्राधीकारी**



### कृती 1

- बँको/एनबीएफसीएस शाखो वा वॅबसायटीचेर लेखी कागाळ नोंद करची
- बँको/एनबीएफसीएस तुमची कागाळ सोडयतले म्हूण 30 दिसमेरेन वाट पळोवची
- बँको/एनबीएफसीएस हाणी केल्लो निवाडो समाधानकारक नासल्यार, कृती 2 त वचचें

**<u>एस्केलेशन मॅट्रिक्स</u>**
**शाखा वेवस्थापक → झोनल अधिकारी → मुखेल कचेरी**

### कृती 2

- बँको/एनबीएफसीएस हांचे आड https://cms.rbi.org.in वरवीं कागाळ वेवस्थापन प्रणाली पोर्टलाचेर कागाळ नोंद करची वा;
- सॅंट्रलायझ्ड रिसिप्ट ऍंड प्रॉसेसिंग सॅंटर, रिझर्व बँक ऑफ इंडिया हांकां लेखी कागाळ धाडची
- कागाळ संबंदीत प्रस्नांखातीर, फुडले टोल फ्री क्रमांकाचेर कॉल करचो टोल फ्री क्रमांक आसा14448

### कृती 3

- लोकपालान दिल्ल्या उपायाचेर समाधानी नासल्यार गिरायक 30 दिसांभितर अपील अधिका-याकडेन अपील फायल करूंक शकता.
- अपील अधिकारी हो रिझर्व बँक ऑफ इंडिया (आरबीआय) चो डेप्युटी गर्वनर आसा.

# सुरक्षित डिजिटल बँकिंग

- ऑनलायन वा फोना वरवीं कोणांय वांगडा तुमचे पासवर्ड, पीन, ओटीपी, सीव्हीव्ही वांटिनाकात
- तुमकां एसएमएस, ईमेल वा सोशल मिडिया प्लेटफॉर्मांचेर येवपी दुबावीत लिंकाचेर केन्नाच क्लिक करिनाकात



# सुरक्षित डिजिटल बँकिंग पद्दती

## सुरक्षित बँकिंग पद्दतीं खातीर किदें करचें (Dos)

- ✓ सदांच बँक/सेवा पुरवण करप्याच्या अधिकृत वॅबसायटीचेर वच्चे आनी सुरक्षित आसपी वॅबसायटीचो वापर करचो उ. , https:// - जंय इंग्लीश 's' म्हणल्यार सुरक्षित वॅबसायट असो अर्थ जाता
- ✓ तुमच्या मोबायल/लॅपटॉप/पीसी चेर ऍप्लिकेशनां डावनलोड करता आसतना वा तुमकां तंत्रिक बाधा येतात जाल्यार तांच्या वयलीं सगलीं पेयमँट/फायनान्स ऍप्लिकेशनां पयलीं लॉग आवट करचीं
- ✓ बँको वा ई-कॉमर्स प्लॅटफॉर्मां समान दिसपी फटकि-या वॅबसायटीं पसून पयस रावंक वॅबसायट/युआरएलचें स्पेलिंग तपासचें
- ✓ ईमेल अस्सल नाम्यावयल्यान आयला हाची खात्री करूंक आयिल्ल्या ईमेलीचें स्पेलिंग आनी शीर्षक तपासचें
- ✓ एसएमएस/वॉट्सऍप/ईमेल इ. वयल्यान येवपी शॉर्ट केल्ले युआरएल/गुगल फॉर्मां क्लिक करच्या आदीं विचार करचो.
- ✓ बँको/ईकॉमर्स/सर्च इंजिन वॅबसायटीचें लिंक दिवपी मेल आडावचे/अनसबस्क्राय करचे/स्पॅम म्हूण कळीत करचे
- ✓ ऑनलायन उत्पादनां खरेदी करतना/विकतना जतनाय घेवची. युपीआय वरवीं पयशे मेळयतना पीन/पासवर्ड घालपाची गरज आसना
- ✓ वातावरण बरें आसतना बरेच कालावधी मेरेन तुमच्या फोनाचेर मोबायल नॅटवर्क येना जाल्यार तत्काळ तुमच्या मोबायल ऑपरेटराकडेन संपर्क करचो
- ✓ तुमकां पूर्व म्हायती दिनास्तना ओटीपी जनरेट करूंक ना हाची खात्री करूक  एसएमएस/ईमेली नेमान तपासच्यो
- ✓ खंयच्याय कंपनी वांगडा वेव्हार करतना, ती नोंदणीकृत आनी परवानोधारक संस्था आसा हाची तपासणी करची
- ✓ दोन घटक प्रामाण्य सुविधा उपलब्ध आसा थंय ती चालू करची
- ✓ एटीएम वापरतना, पीन टायप करना कीपॅडाचेर तुमचो एक हात आडसर म्हूण धरचो
- ✓ नकद रक्कम येना जाल्यार, एटीएम चेर ‘रद्द करचें ‘ बटन दामचो आनी मुखेल स्क्रिन आयल्या उपरांतूच तुमी भायर सरचें
- ✓ गिरायक जतनाय क्रमांक केन्नाच मोबायल नंबराच्या स्वरूपान आसनात हाची नोंद घेवची
- ✓ सीडीएम हातूंत नकद  भरतना,  थंय सावंन भायर सरच्या आदीं मशीनान नकद रक्कम सारकी स्विकारल्या हाची खात्री करून घेवची
- ✓ सदांच एटीएम मशीनाच्या कीपॅड वा इन्सर्शन स्लॉटा लागसार अतिरिक्त उपकरण बसोवंक ना हाची खात्री करून घेवची

# सुरक्षित डिजिटल बँकिंग पद्धती

## सुरक्षित बँकिंग पद्धती खातीर किदें करचें न्हय

- अनवळखी लोकांचेर विस्वास दवरचो न्हय आनी एटीएम कडेन तांचो आदार घेवचो न्हय कारण क्रेडॅन्शिअल्स चोरी जावपाची शक्यताय आसता
- सीम कार्डाचो तपशील आनी मोबायल नंबर कोणांक दिवचो न्हय वा एटीएम कार्डाचेर पिन नंबर बरोवचो न्हय वा वॅबसायटी/उपकरणां/भौशीक लॉपटॉप/डॅस्कटॉप्स हांचेर तपशील सांबाळून दवरचो न्हय
- बँको, विमो, सरकार इ. चो एजंट म्हूण वळख सांगपी कॉल सँटर वयल्या व्यक्तिच्या जाळ्यात सापडचें न्हय आनी उपेगकर्ता नांव, पासवर्ड, कार्डाचो तपशील/पिन/सीव्हीव्ही/ओटीपी, जल्म तारीख, आधारा क्रमांक, कुटुंब वांगड्याचें नांव इ. वांटपाक कोणाच्याच दबावाक बळी पडचें न्हय.
- सर्च इंजिन, एसएमएस, सोशल मिडिया इ. हातूंतल्यान सेवा पुरवण करप्याचो तपशील सोदचो न्हय
- अनवळखी/पुनर्तपासणी करूंक नाशिल्ल्या लिंकांचेर क्लिक करचें न्हय आनी अनवळखी लोकांच्या सल्ल्या वयल्यान सत्यापित करूंक नाशिल्ल्या स्त्रोताकडल्यान येवपी ऍप्लिकेशनां डावनलोड करचीं न्हय
- हेरांक तुमच्या बँक खातें/एटीएम कार्ड कमीशन वा हेर खातीर वापरपाची अनुमती दिवची न्हय जाका लागून दुडू कमोवपाखातीर बँक खात्याचो गैरवापर जाल्ल्यान पुलिस चवकशेक तोंड दिवचें पडूं येता
- तुमचो केव्हायसी तपशील/खात्याचो तपशील/एटीएम कार्डाचो तपशील/पिन/सीव्हीव्ही/ओटीपी तपशील विचारपी कॉल्स/ईमेली/एसएमएसांक प्रतिसाद दिवचो न्हय
- संबंधीत ईमेली/कॉलांक प्रतिसाद दितना सुरक्षित क्रेडॅन्शिअल्स वांटचे न्हय आनी बिनभरवंशाच्या लॉटरी ऑफर्सांचेर विस्वास दवरचो न्हय
- व्हडा प्रमाणात रक्कम आरबीआय कडेन पडून आसा आनी ती सुटावी करूंक कांय रक्कम कोणाक तरी वांटूक जाय अशा आशयाच्या दाव्यांक प्रतिसाद दिवचो न्हय
- रीणाची रक्कम नकद फारीक करून स्वताची फसवणूक करून घेवची न्हय
- प्रायज मनी, सरकारी अनुदान मेळोवंन दिवपाचें उतर दिवपी आनी दुडू मेळोवपाचें/मोबायल शिल्लक रिचार्ज करपाचें/सरकारी नोकरी दिवपाचें उतर दिवपी संदेशाक प्रतिसाद दिवचो न्हय
- पेयमँट करचो न्हय वा कमी कळंतर दर/सुरक्षित तत्काळ रीण अशा ऑनलायन ऑफरींचेर विस्वास दवरून सुरक्षित क्रेडॅन्शिअल्स नोंद करचे न्हय
- फायनान्शिअल ऍप्लिकेशनां वापरतात त्या डिव्हायसाचेर ऍप्लिकेशनां वांटपाखातीर स्क्रीन शेअरींगचो वापर करचो न्हय
- अनवळखी पेयमँट ऍप्स वापरून QR कोड स्कॅन करिनाकात कारण ताचो वापर युपीआय पिन त केल्या उपरांत पयशे स्थलांतर करूंक करपाक मेळटा
- भौशीक चार्जींग पॉयंट वा असुरक्षीत व्हाय-फाय चो वापर करचो न्हय कारण ताचो वापर मालवॅर स्थलांतर करूंक आनी तुमच्या फोनातलो डेटा नियंत्रीत करूंक जावंक शकता

# इलॅक्ट्रॉनीक बँकिंग

## Dos

- सदांच खात्री केल्ल्या आनी विस्वासू ब्रावजरांतल्यान आनी एचटीटीपीएस (एस म्हणल्यार सुरक्षित) सुरक्षित वॅबसायटीचो वापर करून पेयमँट खातीर तुमचो बँकेचो युआरएल टंक करचो. युआरएल विंडो (प्रतिमा) त सुरक्षित सायन (लॉक) इन सोदचें
- अक्षरांक्रमांक आनी विशेश वर्ण (#.", @. $ इ.) वापरून तुमचे पासवर्ड वळखप कठीण करचें
- तुमी तुमचो पासवर्ड नेमान बदलीत रावचो
- सदांच तुमचीं पेयमँट ट्रांझेक्शन ऍप्लिकेशनां (बँको, हेर, वॉलेट्स इ.) नवेताल्ल वर्जनात अपडेट दवरचीं
- तुमच्या बँक खात्या वांगडा तुमचो मोबायल नंबर आनी ईमेल आयडी लिंक करचो आनी एसएमएस/ई-मेल दक्षताय सेवा घेवची
- कसलेंय असादारण/अनधिकृत ट्रांझेक्शन जालें जाल्यार, बँकेक तत्काळ कळोवचें

## Don’ts

- तुमची बँक वॅबसायट ऑनलायन सोदातल्यान केन्नाच ऍक्सॅस करची न्हय
- फोनाचेर लॉगइन क्रेडॅन्शिअल्स केन्ना सांठोवचे न्हय, तशेंच विस्वास नासपी पोर्टलां/सेवा पुरवण करप्यां वांगडा केन्नाच क्रेडॅन्शिअल्स वांटचे/सांठोवचे न्हय
- भौशीक डिव्हायसां, सायबर कॅफे आनी असुरक्षित/उकत्या नॅटवर्कांचेर जशे भौशीक/फुकट WiFi चेर ट्रांझेक्शन करप टाळचें
- तुमचो मोबायल बँकिंग पिन वा इंटरनॅट बँकिंग आयडी, पासवर्ड आनी ओटीपी (बँकेचो कर्मचारीवर्ग हांच्या सयत) कोणाच वांगडा वांटचो न्हय

# युनिफाईड पेयमँट इंटरफेस (युपीआय)

**Dos**

- युपीआय ऍप अपडेट दवरचो
- सदांच वेपारी/व्यक्तीच्या विनंतीचो ती स्विकारच्या आदीं नियाळ घेवचो
- हस्तांतरण परिणामकारक जावच्या आदीं रक्कम आनी लाभार्थी परत तपासचो आनी परत-पुश्ती करची

**Don’ts**

- तुमचो पिन कोणांच वांगडा केन्ना वांटचो न्हय
- पयली प्राप्तकर्त्याची पुश्ती/पुनर्तपासणी केल्या शिवाय पयशे हस्तांतरण करप टाळचें

# गिरायक जागृताय - सायबर धमक्यो आनी फटवणूक

फटोवपी गोपनीय म्हायती जशें उपेगकर्त्याचो आयडी, लॉगइन/ट्रांझेक्शन पासवर्ड, ओटीपी (वन टायम पासवर्ड), डॅबिट/क्रेडिट कार्डाचो तपशील जशें की पिन, सीव्हीव्ही, एक्सपायरी तारीख आनी हेर व्यक्तिगत म्हायती मेळोवपाचो येत्न करतात. फटोवपी सद्याक वापरतात त्यो कांय पद्दती अश्यो आसात –



**विशींग – बँक/नॉन-बँक ई-वॉलेट पुरवदार/टेलीकॉम सेवा पुरवणदार हांच्या कडल्यान फोन केल्ल्याचें भासोवंन गिरायकांक केव्हायसी अपडेट करपाच्या/खातें/सिम कार्ड अनब्लॉक करपाच्या नांवाखाला, रक्कम क्रेडिट वा डेबिट करपाच्या इ. नांवाखाला तांकां गुपीत म्हायती तांच्या वांगडा वांटूक लायतात.**



**फिशींग** – फटोवपी ईमेल वा एसएमएस जे गिरायकांक तांच्या बँक/ई-वॉलेट पुरवण करप्याकडल्यान आयिल्ल्यांचे भासोवंन तांकां गुपीत म्हायती भायर काडपी लिंक उगडूंक लायतात.



**रिमोट ऍक्सॅस** – गिरायकांक तांच्या मोबायल फोन/संगणकाचेर ऍप्लिकेशन डावनलोड करूंक लायतात जें गिरायकाच्या डिव्हायसाचेर आसपी सगलो गिरयकाचो डेटा ऍक्सॅस करूंक शकता.

UNIFIED PAYMENTS INTERFACE

पयशे मेळोवपा खातीर 'तुमचो युपीआय पिन घालचो' सारक्या संदेशांसयत बनावट पेमेंट विनवण्यो धाडून युपीआयच्या 'कलॅक्ट रिक्वेस्ट' खाशेलपणाचो गैरवापर करप.



वॅबपेजेस/सोशल मिडियाचेर बँको/ई-वॉलेट पुरवण करप्यांचे फट नंबर आनी सर्च इजिन इ.

# फसवणूक जाली जाल्यार करपाची कृती

तुमची बँक/एनबीएफसी कडेन संपर्क करचो आनी तुमचें खातें/कार्ड तत्काळ ब्लॉक करचें आनी लेखी कागाळ नोंद करची

↓


भारतीय सायबर क्रायम कॉर्डिनेशन सँटर कडेन कागाळ/एफआयआर नोंद करची वा सायबर क्रायम हॅल्पलायन नंबर 1930 चेर कॉल करचो

↓

लाभार्थ्यांचें खातें(तीं) हातूंत निधी आडावपा खातीर तुमच्या शाखेकडेन संपर्क करचो

↓

तुमची कागाळ सुटावी करूंक बँक/एनबीएफसीक अपेस आयलें जाल्यार आरबीआय लोकपालाकडेन प्रकरण व्हरचें.




# डिजिटल/ऑनलायन फटवणूक आडावप

- तत्काळ शिटकावण्यो मेळच्यो देखून तुमचो मोबायल नंबर आनी ईमेल तुमच्या बँकेकडेन नोंद करचो
- मोबायल, ईमेल वा पाकिटांत म्हत्वाचो बँकेचो डेटा केन्नाच दवरचो न्हय
- ऑनलायन बँकिंग खातीर फकत खात्रीशीर, सुरक्षीत आनी विस्वासू वॅबसायटी वापरच्यो
- भौशीक, उकत्या वा फुकट नॅटवर्कां वरवीं बँकिंग टाळचें
- तुमचो ऑनलायन बँकिंग पासवर्ड आनी पिन नेमान बदलचो
- तुमचें एटीएम कार्ड, डेबिट कार्ड, क्रेडिट कार्ड, प्रीपेड कार्ड शेणलें वा चोरयेक गेलें जाल्यार तें तत्काळ आडावचें

# गिरायक संरक्षण धोरण

**प्रणाली आनी कार्यपध्दती बळकट करप – गिरायकांक इलॅक्ट्रोनीक बँकिंग ट्रांझेक्शनां करतना सुरक्षित दिसचें देखून बँकांनी प्रणाली आनी कार्यपध्दती**

- मजबूत आनी डायनॅमिक फटवणूक सोद आनी प्रतिबंधात्मक यंत्रणा;
- अनधिकृत वेव्हारांक लागून उप्रासपी जोखमी (देखीक, बँकेच्या सद्याच्या प्रणालींतलें अंतर) चें मूल्यांकन करपाखातीर आनी अशा घडणूकांक लागून उप्रासपी दायित्वांचें मोजमाप करपी यंत्रणा;
- जोखीम कमी करपाखातीर आनी तातूंतल्यान उद्भवपी दायित्वांपसून स्वताचें संरक्षण करपाखातीर योग्य उपाय;
- इलॅक्ट्रोनिक बँकिंग आनी पेमेंट संबंधीत फटवणूपसून स्वताचें संरक्षण कशें करप हे बाबत गिरायकांक नेमान आनी परत-परत सल्लो दिवपी प्रणाली
- अनधिकृत इलॅक्ट्रोनिक बँकिंग वेव्हारांखातीर गिरायकांक भरपाय दिवपाखातीर पारदर्शक , भेदभाव नासपी आनी निर्धारीत यंत्रणा

# बँकिंगात तंत्रज्ञानाचो वापर करप

- **डिजिटल बँकिंग ‘सोयीचें’ आनी ‘सुरक्षित’ लेगीत आसता.**
- तुमच्या बोटाच्या तेंगशेर बँकिंग, तुमच्या घरात बसून
- जलद आनी सुरक्षित पेमेंट वरवीं वेळेची बचत जाता
- वेगवेगळ्या ट्रांझेक्शनाखातीर वेगवेगळे डिजिटल पेमेंट पर्याय
- एनईएफटी, आयएमपीएस, युपीआय आनी बीबीपीएस 24x7 उपलब्ध आसतात



# स्मार्टफोन वा इंटरनेटचो ऍक्सॅस ना?

## *99# वापरून डिजिटल जावचें

युएसएसडी कोड (*99#) डायल करून इंटरनॅट कर्नेक्टिव्हिटी शिवाय फोन/स्मार्ट फोन वापरून दोन बँक खात्यांनी पयशे स्थलांतर करूंक मेकळीक दिवपी प्लेटफॉर्म




- तुमचो युपीआय पिन वापरून, फकत लाभार्थीचो व्हर्चुअल नामो जाणून घेवंन तुमी खंयच्याय लाभार्थ्याकडेन निधी सुरळीतपणान स्थलांतरीत करूंक शकतात.
- लाभार्थ्याकडेन व्हर्च्युअल नामो नासल्यार, आयएफएससी/खातें क्रमांक वा बँक खात्याकडेन लिंक केल्लो आधार क्रमांक वा फोन क्रमांक वापरून लेगीत लाभार्थ्याक निधी स्थलांतरीत करपाचो पर्याय आसा.
- "998 वरवीं कोणूय युपीआय आनी #998 चेर नोंद आसपी प्राप्तकर्त्याक निधी स्थलांतरीत करूंक शकता.

### एक वेळची नोंदणी प्रक्रिया

1. *99# डायल करचे आनी भास वेंचची
2. तुमच्या बँकेच्या आयएफएस सीचे पयले चार अंक नोंद करचे
3. बँक खातें वेंचचें
4. तुमचो व्हर्च्युअल पेमेंट नामो (व्हिपीए) वा युपीआय आयडी मोबायल @ युपीआय आसतलो
5. *99*7*1# डायल करून आनीएटीएम कार्डाचे निमाणे 6 अंक आनी म्हयनो आनी वर्स आनी एक्सपायरी वर्स घालून युपीआय पिन तयार करचो

# तुमचे कडेन स्मार्टफोन आनी इंटरनॅट ऍक्सॅस आसा?

## युनिफायड पेयमेंट्स इंटरफेस (युपीआय) प्लॅटफॉर्म वापरून डिजिटल वचचें

इंटरनॅटाचो ऍक्सॅस आसपी मोबायल फोन वापरून दोन बँक खात्यांनी पयशे स्थलांतर करूंक मेकळीक प्लॅटफॉर्म



- तुमचो युपीआय पिन वापरून, फकत लाभार्थीचो व्हर्चुअल नामो जाणून घेवंन तुमी खंयच्याय लाभार्थ्याकडेन निधी सुरळीतपणान स्थलांतरीत करूंक शकतात.
- लाभार्थ्याकडेन व्हर्च्युअल नामो नासल्यार, आयएफएससी/खातें क्रमांक वापरून लेगीत लाभार्थ्याक निधी स्थलांतरीत करपाचो पर्याय आसा.


### एक वेळची नोंदणी प्रक्रिया

1. BHIM ऍप डावनलोड करचो
2. ऍप उगडचें, डिव्हायस नोंदणी करूंक एक एसएमएस वतलो
3. लॉगइन पासकोड तयार करचो आनी तुमी लॉगइन जाल्या उपरांत बँक खातें वेंचचें
4. तुमचो व्हर्च्युअल पेयमॅंट नामो (व्हीपीए) वा युपीआय आयडी मोबायल @युपीआय आसतलो
5. एटीएम कार्डाचे निमाणे 6 अंक आनी म्हयनो आनी वर्स आनी एक्सपायरी वर्स आनी तुमच्या मोबायल क्रमांकाचेर आयिल्लो ओटीपी घालून युपीआय पिन तयार करचो

# वरिष्ठ नागरीक आनी भिन्न विकलांग नागिरकांखातीर डोअरस्टेप बँकिंग सेवा

**आरबीआयन बँकांक वरिष्ठ नागरीकां खातीर बँकिंग सोयीस्कर करूंक सांगलां**

- तुमची पिराय 70 वर्सां वयर आसल्यार, तुमकां कांय मुळाव्यो बँकिंग सुविधा घराकडेन मेळूंक शकतात
- बँको बँकांनी आसपी जल्मतारखेच्या नोंदी वयल्यान स्वयंचलीतपणान पूर्ण केल्हायसी अनुरूप खातें ‘वरिष्ठ नागरीक खातें’ हातूंत रुपांतरीत करता
- वरिष्ठ नागरीकांक तांच्या बँकिंग गरजांखातीर प्राथमिकताय दिवंक बँको तांच्या शाखांनी समर्पित काउंटर्स पुरवण करतात



# भिन्न दुबळ्या नागिरकांखातीर बँकिंग सेवा

- बँको हे सुनिश्चित करतात की सगल्यो बँकिंग सुविधा जशें की थर्ड पार्टी चेक, एटीएम सुविधा, नॅट बँकिंग सुविधा, लॉकर सुविधा, किरकोळ कर्ज, क्रेडिट कार्ड इत्यादी, कसलेच भेदभावाशिवाय अंधांक सदांच पुरवण केल्यो वतात. डोळ्यांनी दिसना आशिल्ल्यांक बँकिंग सोंपें जावचें देखून **ब्रैल किपॅड** सयत किमान एक उलोवपी एटीएम वाठारांत स्थापन केल्लें आसा

- बँका हे सुनिश्चित करतात की सगलीं **अस्तित्वांतलीं एटीएम / रॅम्प आसपी भविष्यातलीं एटीएम** जाकालागून  व्हीलचेअर वापरकर्ते / दुर्बळ मनीस तातूंत सहज वचूंक शकतले आनी एटीएमची उंचाय व्हीलचेअर वापरकर्त्यांक वापरूंक बाधा हाडची ना अशे तरेन वेवस्था कतात.
- **बँक शाखांच्या फुडले दाराचेर बँको  रॅम्प लेगीत पुरवण करतात** अशे तरेन बँको शारीरिक रितीन दुबळो व्यक्ती / व्हीलचेअर वापरकर्ते बँकेच्या शाखांनी प्रवेश करूंक पावतले आनी कसलेच आडखळी बगर वेवसाय करूंक पावतले हें सुनिश्चीत करतात.

# एमएसएमईएस/स्व आदार गटांक उपलब्ध आसपी बँकेच्यो सेवा

### एसएचजी बचती खातीर केव्हायसी

- एसएचजी चें बचत बँक खातें उगडटना एसएचजीच्या सगल्या वांगड्याची केव्हायसी पुनर्तपासणी करपाची गरज आसना.
- सर्व पदाधिकाऱ्यांची केवायसी पुनर्तपासणी फावोशी आसतली.
- तथापि, एसएचजीच्या वतीन खाते उघडपाखातीर अधिकृत पदाधिकाऱ्यांचो येत्र आसपी SHG चो थाराव सादर करप गरजेचो आसतलो.

### मार्जीन आनी सुरक्षा नेम

- रीण मेळोवपा खातीर एसएचजीएस कडल्यान खंयचीच घाणाक दवरपाची हमी मेळची ना
- एसएचजीएस साबार वर्सां खातीर येसस्वीरितीन चलता जाल्यार रीणाची रक्कम चार पट करप शक्य आसा . एसएचजीएसान वेळार फाटलीं रिणां फेडिल्लीं आसूंक जाय. एसएचजीएसान जापसालदारकेन क्रेडिट सुविधावापरिल्ली आसूंक जाय.

### स्वयं बचत

- स्वयं वा ऐच्छिक बचत दोन तरेन मेजूंक मेळटा
  - ❖ गट कॉर्पसाचो भाग जायना आसतना
  - ❖ गट कॉर्पसाचो भाग जावंन आनी अंतर्गत-गट रीणाचो वापर करून
- ऐच्छिक बचत लेगीत बँकेकडल्यान गटाक दिल्ल्या कर्जाच्या प्रमाणाखातीर मेजतले जाचो तुमच्या एसएचजीक फायदा जावंक शकता कारण एसएचजीक बँकेकडल्यान व्हडा प्रमाणात रीण मेळूंक शकता. एसएचजीचे वांगडी एकठांय थारायतले कीं गटाच्या वांगड्यांनी केल्ली ऐच्छिक बचत गटाक मेळपी रीण उत्पन्नात वा लाभांशांत समसमान वांटून घेवंक पात्र आसा.

AXIS BANK